Aakashvani Panaji Regional news 7.25 am 29th October 2025

Cm paakshala

गोंयच्या  पारंपरीक पाकशास्त्र संस्कृतीचे संवर्धन करपाक आनी वाडोवपाक खऱ्या अर्थान प्रयत्न करपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरी हांगा सचिवालयात म्हायती आनी  प्रसिद्धी खात्यान प्रकाशीत केल्ल्या 'गोवा अन्नसंस्कृती' ह्या मराठी पुस्तकाचे प्रकाशन केल्या उपरांत उलयतना सांगलें.पद्मश्री पुरस्कार जैतिवंत श्री. विनायक खेडेकर हांणी गोंयच्या  पारंपरीक पाकशास्त्र संस्कृतीचेर  हे पुस्तक बरयला.  आधुनिकीकरणाक लागून गोंयची पारंपरीक खाद्य संस्कृती फाटी पडपाक लागल्या आनी अशा वेळार  श्री. खेडेकर हांणी बरयिल्लें  हे पुस्तक गोंयची पारंपरीक पाकशास्त्र आनी खाद्य संस्कृती सांबाळपाक उपेगी थारतले. गोंयच्या तरणाट्या पिळगेन  हे पुस्तक वाचपाक जाय आनी ताचो उपेग आपल्या दिसपट्टे जीणेत करून पारंपरीक पाकसंस्कृतीक प्रोत्साहन दिवपाक जाय, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी सांगलें, हे पुस्तक गोंयच्या अन्न संस्कृतीचेर उजवाड घालतागोंयच्या पारंपरीक अन्न संस्कृतीचे संवर्धन करपा खातीर पर्यटन मळाचेर आवश्यक उपाय करपाचेर आनी उपक्रम राबोवपाचेर भर दिवपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगलें

गोयल

मुखेल वेचणूक आयुक्तन गोया वांगडा देशांतल्या बार राजयणी sir ची घोषणा केल्या. काल गोयचे मुखेल वेचणूक आयुक्त संजय गोयल हाणी राजकीय पक्षाच्या मुखेळयांची बसका घेतली आनी sir प्रक्रियेची महयती दिली . राजकीय पक्षांनी गरजेचे  सहकार्य करपाचे उतर दिल अशी महयती गोयल हाणी दिल्या. Byte

Goa agri 88

गोवा कॉलेज ऑफ एग्रीकल्चराच्या शेतकी अभ्यासक्रमाक इंडियन काउन्सिल ऑफ एग्रीकल्चरल रिसर्च (आयसीएआर), नवी दिल्ली कडल्यान मान्यताय मेळ्ळ्या अशी म्हायती गोंय शेतकी संचालक संदीप फळदेसाय हांणी दील्या.हे फांटभुयेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणले की गोंयांतल्या शेतकी शिक्षणाच्या उंचेल्या पांवड्याची आनी प्राध्यापक, विद्यार्थी, आनी प्रशासनाच्या समर्पणाची ही मान्यताय

अभिमानाची वळख. ह्या म्हत्वाच्या कामा खातीर गोंय कृषी महाविद्यालयाच्या पुराय पंगडाक हांव परबीं दितां. गोंयच्या तरणाट्यांक शेतकी, शेतकी उद्देजकता, आनी संबंदीत मळार संदी सोदून काडपाक, आनी स्वयंपूर्ण आनी विक्षित गोंयच्या आमच्या सामुहीक दृश्टीकोनांत सक्रीयपणान योगदान दिवपाचे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान तरणाट्यांक केला.

**कंत्राटी मुजतवाड**

तरेकवार खात्यातल्या कंत्राटी कर्मचाऱ्यांक मुजतवाड दिवपाची परवानगी सरकारान दिल्या. खात्यांक तांचे कडेन 31 ऑक्टोबर 2025 मेरेन कंत्राटाचेर आशिल्ल्या एमटीएस कर्मचाऱ्यांक खात्याचे गरजे प्रमाण वा चडांत चड ३१ ऑक्टोबर २०२६ मेरेन मुजतवाड दिवपाक मेळटली. कार्मीक खात्यान हालींच हे विशीं आदेश जारी केला. कंत्राटी नियुक्त्यांक मुजतवाड दिवचे पयलीं खात्याच्या मुखेल्यांनी मंजूर सुवातेवेली रिती सुवात नेमान भरपा खातीर गोंय कर्मचारी निवड आयोग, गोंय लोकसेवा आयोगाकडेन धाडटले, हाची खात्री करप आवश्यक आसा. पीऊन, ड्रायव्हर, एलडीसी, डेटा एंट्री ऑपरेटर, स्टेनोग्राफर हांका मुजतवाड मेळटली.

**भक्ती गीत गायन सर्त**

कार्तिकी एकादशी निमतान श्री साई कृपा धाम मंडळ आनी कलासागर सांस्कृतीक केंद्र शिरोडा हांणी आयोजीत केल्ली तिसरी अखिल गोंय भक्ती गीत गायन सर्त शेनवारा 1 नोव्हेंबर 2025 दिसा दनपारां 2 ते 7 वरां मजगतीं जातली. पयली नोंदणी करपी फकत 25 सर्तकांक वांटो घेवंक मेळटलो. ही सर्त धा ते वीस वर्सां पिरायेच्या चले-चलयां खातीर उक्ती आसा.

**बुध्दिबळ**

बेळगांवांत जाल्ल्या सतीश अण्णा ऑल इंडिया ओपन फिडे रँकिंग बुध्दिबळ सर्तींत गोंयचो आंतरराष्ट्रीय मास्टर बुध्दिबळ खेळगडो अमेय अवदी हाणे बरी

कामगिरी दर्शयली . ताणें हेर स खेळगड्या वांगडा पयलो क्रमांक वांटून घेतलो, पूण टायब्रेकर गुणांत  तो  उपविजेतो थारलो . अमेय, सर्तींत सव्या क्रमांकाचेर आशिल्लो. ताणें णव फेरयेंतल्यान आठ गूण मेळयले.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 29  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **24** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला**.** राज्यात काय वठरणी मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला